Aakashwani Panaji National

26 January 2025 8.40 am

आयज राष्ट्र छत्तारावो प्रजासत्ताक दीस मनयता. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू नवी दिल्लींतल्या कर्तव्य मार्गांतल्यान प्रजासत्ताक दीस मनयतना राष्ट्राचें फुडारपण करतल्यो. प्रजासत्ताक दिसाची परेड सकाळीं 10:30 वरांचेर सुरू जातली आनी सुमार 90 मिनटां चलतली.प्रजासत्ताक दिसाची परेड सुरू जातली आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी राष्ट्रीय झुजाच्या स्मारकाचेर माळ घालतले.राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू विधीपुर्वक बग्गींतल्यान कर्तव्य मार्गाचेर पावतले आनी विधीपुर्वक मोर्चा फाटल्यान सलामी घेतले, तातूंत सशस्त्र दळ, परा लश्करी दळ, सहाय्यक नागरी दळ, एनसीसी आनी एनएसएस हांचे युनिट आसतले. इंडोनेशियाचे राष्ट्राध्यक्ष प्रबोवो सुबियांतो हे परेडांत मुखेल सोयरो आसतले . इंडोनेशियांतल्यान आयिल्लो 160 वांगड्याचो मार्चिंग पंगड आनी 190 वांगड्याचो बँड पंगड ह्या परेडांत वांटो घेतलो. वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान, केंद्रीय प्रदेशांतल्यान, आनी केंद्र सरकाराच्या मंत्रालयांतल्यान आनी खात्यांतल्यान एकतीस चित्ररथ आसतले , तातूंत स्वर्णिम भारत: विरासत और विकास हो विशय दाखयतले. 47 विमानांनी फ्लायपास्ट करून ही कार्यावळ सोंपतली.

---

प्रजासत्ताक दिसाच्या पूर्वसांजेर काल, राष्ट्रा मुखार केल्ल्या प्रेरणादायक संबोधना खातीर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचे उपकार मानले. सोशल मिडियाचेर तांणी केल्ल्या पोस्टांत, राष्ट्रपती मुर्मू हिणे जायत्या विशयांचेर, संविधानाचें व्हडपण तशेच राष्ट्रीय प्रगती खातीर वावुरपाची गरज, हाचेर भर दिला, अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगला.

---

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी छताराव्या प्रजासत्ताक दिसाच्या आदल्या दिसा 11 सशस्त्र दळ आनी केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळाच्या त्र्यांनव कर्मचाऱ्यांक गॅलॅन्ट्री पुरस्कार दिवपाक मान्यताय दिल्या. तातूंत दोन कीर्ति चक्र, एक

मरणाउपरांत, 14 शौर्य चक्र, तीन मरणाउपरांत , एक बार टू सेना पदक , सासष्ठ सेना पदकां, तातूंत सात मरणाउपरांत, दोन नाओसेना पदक (गॅलॅन्ट्री) आनी आठ वायुसेना पदकांचो आस्पाव जाता.कीर्ति चक्र मेजर मंजीत आनी नायक दिलवार खान(मरणाउपरांत) हांकां फावो जाला. झुजाच्या मैदानांतल्यान पयस शौर्य, धैर्यपूर्ण कृती वा आत्मत्याग हांचेखातीर कीर्ती चक्राचो पुरस्कार दितात. राष्ट्रपतींनी 2025 वर्सा खातीर एकूण चाळीस पद्‌म पुरस्कार दिवपाक मान्यताय दिल्या.ह्या वळेरेंत सात पद्‌म विभूषण, 19 पद्‌मभूषण आनी 113 पद्‌मश्री पुरस्कार आसात. पुरस्कार मेळोवप्यां मदीं 23 बायलां आसात आनी हे वळेरेंत परकी/एनआरआय/पीआयओ/ओसीआय ह्या वर्गांतले 10 आनी मरणा उपरांतचे 13 जाणांचोय आस्पाव आसा. गोयची समाज वावुरपी लिबिया लोबो सारेसाई हांका पद्‌मश्री, पुरस्कार जाहीर जाला. ती गोयची सुटके झुझारी जिने गोय मुक्ती आनी उदरगतीत महत्वाची भूमिका साकारली.

---

प्रजासत्ताक दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राष्ट्राक परबीं दिल्यांत. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी , राष्ट्र प्रजासत्ताक जावन 75 गौरवशाली वर्सां मनयता. संविधान तयार करपी सगळ्याक तांणी नमस्कार केलो आनी भारताचो प्रवास लोकशाय, स्वाभिमान आनी एकचारांत रुजला हाची खात्री दिली . संविधानाचे आदर्श तिगोवन दवरपाचे आनी बळिश्ट आनी समृध्द भारताचे दिकेन वावुरपाचे यत्न ह्या प्रसंगाक लागून घटमूट जातात अशी आस्त तांणी उक्तायली.

---

संसदेंत सादर केल्ल्या ‘एक राष्ट्र एक वेंचणूक’ विधेयकांत बऱ्या प्रशासनाच्या अटींची नवी व्याख्या करपाचें उतर आसा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. ‘ एक राष्ट्र एक वेंचणूक’ येवजण शासनांत सुसंगती वाडोवपाक शकता, धोरणात्मक पक्षपात आडावंक शकता, संसाधनांचें वळोवप उणें करपाक

शकता आनी अर्थीक भार उणो करपाक शकता अशें तांणी सांगलें. प्रजासत्ताक दिसाच्या आदल्या दिसा राष्ट्रा मुखार केल्ल्या मार्गदर्शनांत राष्ट्रपती मुर्मू हांणी भारतीय दंड संहिता, फौजदारी प्रक्रिया संहिता आनी भारतीय पुरावो कायदो हांचे सुवातेर भारतीय न्याय संहिता, भारतीय नागरीक सुरक्षा संहिता आनी भारतीय संहिता हाडपाचो निर्णय घेतला अशें तांणी रेखांकित केला . ह्या यत्नांत साक्ष्या अधीनियम हो एक उल्लेखनीय यत्न आशिल्लो.प्रजासत्ताक दीस हो सगळ्या नागरिकां खातीर सामुहीक खोस आनी अभिमानाचो दिस अशें राष्ट्रपतीनी सांगलें. फाटल्या पंचात्तर वर्सांत भारत राष्ट्रांच्या समाजांत आपली योग्य सुवात परत मेळोवपा खातीर पावलां उबारताहाचेर तांणी भर दिलो. न्याय, स्वातंत्र्य आनी भावपण हो भारताच्या संस्कृताय दायजाचो सदांच एक भाग आशिल्लो अशें तांणी मुखार म्हणले.

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी छताराव्या प्रजासत्ताक दिसा निमतान राष्ट्राक परबी दिली . 75 वर्सांच्या गौरवशाली प्रवासांत भारत बळिश्ट आनी समृध्द जाला अशें बिर्ला हाणी आपल्या संदेशांत सांगलें. शेतकी मळा सावन खेळां मेरेन आनी जमनी सावन अंतरिक्ष मेरेन देशान जायतीं उल्लेखनीय कामां साध्य केल्यांत अशें तांणी सांगलें. देशांतल्या दरेका नागरिकान लोकशाय प्रक्रियेंत वांटो वाडोवपाचें उतर दिवचें अशें तांणी सांगलें. देशाचें स्वातंत्र्य मेळोवपाक वावुरपी आनी संविधान तयार करपाक योगदान दिवपी व्हड व्यक्तींचेय ताणें उगडास केलो.

---

केंद्रान एकीकृत निवृत्ती वेतन येवजण, यूपीएस चालीक लावपाची अधिकृत म्हायती दिल्या. केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यां खातीर राष्ट्रीय निवृत्ती वेतन पद्दती खाला पर्याय म्हूण सरकारान फाटल्या वर्सा ऑगस्टांत एकीकृत निवृत्ती वेतन येवजण सुरू केल्ली. ही येवजण अंदू 1 एप्रील सावन लागू जातली. राष्ट्रीय निवृत्ती वेतन वेवस्थे खाला आस्पाव आशिल्ल्या आनी एनपीएस खाला हो पर्याय वेंचपी केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यांक यूपीएस लागू जातलो अशें काल जारी केल्ल्या अधिसुचोवणेंत म्हणलां. सद्याचे केंद्र सरकाराचे कर्मचारी आनी फुडाराचे

कर्मचारी एक तर एनपीएस खाला यूपीएस पर्याय घेवपाची निवड करूंक शकतात वा यूपीएस पर्याया बगर एनपीएस वांगडा चालू दवरपाची निवड करूंक शकतात. अधिसुचोवणे प्रमाण यूपीएस पर्याय वापरिल्ल्या खंयच्याय कर्मचाऱ्याक हेर खंयचीय धोरण सवलत, धोरणांत बदल, अर्थीक फायदो, निवृत्ती उपरांत सयत उपरांतच्या निवृत्त लोकां कडेन खंयच्याय समतेचो दावो करपाक मेळना.

---

आयज प्रजासत्ताक दिसा निमतान महाकुंभांत भक्त आनी पर्यटक भव्य सांस्कृतीक मेळ पळोवपाक मेळटले. मुखेल कार्यावळ गंगा मंडपांत जातली. भक्तांक अध्यात्म, भारतीय संस्कृताय आनी देशभक्तीचो संगम अणभव येतलो.महाकुंभांत गंगा, यमुना, सरस्वती, आनी त्रिवेणी ह्या चारय मंडपांनी वेगवेगळे कार्यावळी जातले. उत्तर प्रदेश संस्कृताय खात्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळींत शास्त्रीय सादरीकरणां आसतलीं जी प्रेक्षकांक आध्यात्मिक प्रवासांत व्हरतली. एके वटेन फारुवाही, बिरहा, आनी आल्हा ह्या सादरीकरणांतल्यान प्रेक्षकांक उत्तर प्रदेशाच्या गांवगिऱ्या संस्कृतायेची वळख करून दितले, जाल्यार फुडें दुसरे वटेन कुचिपुडी, भरतनाट्यम, कथक, हेर सयत शास्त्रीय सादरीकरणांचो लोकांक आनंद मेळटलो. तशेंच सांजवेळार अदभूत ड्रोनशो भक्तांक पळोवपाक मेळटले. प्रयागराजांत चालू आशिल्ल्या महाकुंभांत आतां मेरेन सुमार इकरा कोटी भक्तांनी त्रिवेणी संगमांत पवित्र बुडटी घेतल्या.

---

---

आयज प्रजासत्ताक दिसा वेळार चार कल्याणकारी येवजण्यो औपचारीकपणान सुरू करतले, दर एका मंडळांतल्या फकत एकाच गांवांत संतृप्ती मोडाचेर चालीक लावपा खातीर तेलंगना सरकारान जाहीर केलां. ह्या येवजण्यांनी - रयथु भरोस (शेतकारांक पिकाची मजत), इदिरम्मा आत्मेया भरोस (जमनी नाशिल्ल्या शेतकी मजुरांक वर्सुकी 12 हजार रुपया मजत), रेशन कार्डां वांटप, इंदिरम्मा इलू , हांचो आस्पाव जाता. ह्या येवजण्यां खातीर ग्रामसभांनी मेळिल्ले सगळे अर्ज एकठांय करून तांची चवकशी करतले आनी पात्र व्यक्तींक ह्या येवजण्यां खाला फायदे दितले अशें उपमुख्यमंत्री भट्टी विक्रमका हांणी सांगलें. काल हैदराबादांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना तांणी , मार्च मेरेन हे जातले अशे सांगलें . जायत्या ग्रामसभां

वयल्या रहिवाशांनी आपलीं नांवां वळेरेंतल्यान ना अशी कागाळ केल्या आनी जायते नवे अर्ज दाखल जातात अशें तांणी सांगलें. हे आंकडे लाखांनी हुप्ल्या  आनी अर्ज प्रक्रिया करपाचो व्यायाम पुराय करपा खातीर मार्च मेरेन वाडयला अशें तांणी सांगलें.